Panaji National 31st January, 2025 8.40am

- संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयच्यान सुरू जातलें. संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या जोड बसकेंत राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांच्या अभिभाषणात अधिवेशनाची सुरवात जातली.

- भारत बेगीनूच परवडपी आनी देशी पद्दतीन विकसीत केल्लें आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स (एआय) मॉडेल सुरू करतले अशें केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें.

- महाकुंभ घडणुके फाटलीं कारणां सोदून काडपा खातीर उत्तर प्रदेश सरकारान स्थापन केल्लो न्यायीक आयोग आयज प्रयागराजांतल्या संगम घाटाक भेट दितलो.

- इंडियन सुपर लीग (आयएसएल) फुटबॉलांत काल रातीं चेन्नयच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत केरळ ब्लास्टर्स एफसीन चेन्नयीन एफसीचेर 3-1 अशे जैत मेळयलें.

**Budget – 110**

संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयच्यान सुरू जातलें. संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या जोड बसकेंत राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांच्या अभिभाषणात अधिवेशनाची सुरवात जातली. राष्ट्रपतींच्या अभिभाषणा उपरांत लोकसभा आनी राज्यसभा दोनूय थोड्याच काळा खातीर एकठांय येतले तेन्ना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण अर्थीक सर्वेक्षण मांडटल्यो. अर्थमंत्री शेनवारा केंद्रीय अर्थसंकल्प-2025-26 सादर करतल्यो. लोकसभा आनी राज्यसभा सोमारा राष्ट्रपतीच्या अभिभाषनावेल्या उपकार प्रस्तावाचेर चर्चा करतले. अर्थ विधेयक 2025, वक्फ (दुरुस्ती) विधेयक, 2024, इइमिग्रेशन अँड फॉरेनर्स बिल, 2025, बँकींग कायदे (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 आनी रेल्वे (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 सयत 16 विधेयकां चर्चा आनी मंजुरीखातीर हाडतले. आयच्यान सुरू जावपी

अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो पयलो भाग फुडल्या म्हयन्याचे 13 तारखे मेरेन चालू आसतलो. अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाची दुसरी पांवडी 10 मार्च ते 4 एप्रिल 2025 मेरेन जातलो.

**AI – 160**

भारत बेगीनूच परवडपी आनी देशी पद्दतीन विकसीत केल्लें आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स (एआय) मॉडेल सुरू करतले अशें सरकारान जाहीर केलां. ही म्हायती नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक दितना केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, संवसारांत ह्या प्रकारच्या मॉडेलाचो एक वर वापरपाचो खर्च अडेज ते तीन डॉलर आसता, जाल्यार आर्टिफिशियल इंटेलिजेंसचे भारतीय मॉडेलचो वापरपाचो खर्च 40 टक्के सरकारी अनुदान उपरांत दर वराक 100 रुपया जातलो. तशेंच आकर्शक अर्द वर्सुकी आनी वर्सुकी येवजण्यांक लागून ती आनीक परवडटली अशें तांणी उक्तायलें. शेतकी क्षेत्र, शिकपाक अक्षमता आनी हवामान बदल हांचे संबंदीत 18 नागरिक केंद्रीत अर्जे ह्या एआय मॉडेलाचो भाग आसतले असो उल्लेख वैष्णव हांणी केला.

6 म्हयन्यां भितर भारतीय एआय मॉडेल तयार जातले अशी आस्त वैष्णव हाणी उक्तायली.

डीपसीकच्या गोपनीयतेच्या चिंतेबद्दल विचारलेल्या हुस्क्या विशींच्या प्रस्नाक जाप दितना वैष्णव हांणी म्हायती दिली की सुरक्षा प्रोटोकॉल तपासल्या उपरांत रोखडेंच तें भारतीय सर्वरांचेर होस्ट करतले जाका लागून वापरप्यांक, कोडरांक, developersक ताच्या ओपन सोर्स कोडचो फायदो मेळटलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचें अर्थीक विचार खूब समावेशक आसा अशें तांणी सांगलें.

**MAHAKUMBH - JUDICIAL COMMISSION -115**

महाकुंभ घडणुके फाटलीं कारणां सोदून काडपा खातीर उत्तर प्रदेश सरकारान स्थापन केल्लो न्यायीक आयोग आयज प्रयागराजांतल्या संगम घाटाक भेट दितलो. आयोग घडणुकेचें कारण आनी परिस्थितीची चवकशी करून एका म्हयन्या भितर आपलो अहवाल सादर करतलो. तशेंच फुडाराक अशी घडणूक घडची न्हय हे खातीर उपाय सुचयतले. तीन वांगड्याच्या ह्या आयोगाचे मुखेली अलाहाबाद उच्च न्यायालयाचे निवृत्त न्यायाधीश हर्ष कुमार आसात. उत्तर प्रदेशाचे मुखेल सचीव मनोज कुमार सिंग आनी डीजीपी प्रशांत कुमार हांणी काल

महाकुंभ हांगाच्या संगम घाटाक भेट दिवन 30 जाणांक मरण आयिल्ल्या घडणुकेच्या वाठाराची तपासणी केली. येता ते अमृत स्नान सुरळीत जावंचे म्हणून प्रशासनाक तयार रावून बरे पद्दती आपणावपाचो उलो तांणी मारला. तशेंच चड गर्दी आशिल्ल्या वाठारांनी चडांत चड अधिकारी नेमपाची गरज आसा हाचेर तांणी भर दिलो.

**MORN. MAHAKUMBH – DM - 80**

प्रयागराजचे जिल्हा दंडाधिकारी रवींद्र कुमार मंदार हाणी रस्त्याच्या डायव्हर्शनाक लागून वाहनांच्या प्रवेशाचेर बंदी घालपा विशीं प्रसार माध्यमांनी आयिल्ल्यो खबरो न्हयकारल्या. सोशल मिडियाचेर व्हायरल जाल्ल्या पोस्टांत प्रयागराजांत वाहनांच्या प्रवेशाचेर 4 फेब्रुवारी मेरेन बंदी आसतली असो दावो केला. एका व्हिडिओ संदेशात, मंदार हाणी  स्पष्ट केला की ३१ जानेवारी, १ फेब्रुवारी आणि ४ फेब्रुवारीक खंच्याच  मार्गांत कसलोच बदल जावचो ना. वसंत पंचमी दिसा अमृत स्नान हाका लागून फकत 2 फेब्रुवारी आनी 3 फेब्रुवारीक प्रयागराजांत वाहनांच्या प्रवेशाचेर बंदी आसतली अशें तांणी सांगलें.

Delhi – 125

70 वांगडी दिल्ली विधानसभेची प्रचार नेटान सुरू आसा. मुखेल राजकी पक्षांचे नामनेचे फुडारी आपल्या पक्षाच्या उमेदवारांच्या फावोरांत मतां मेळोवपा खातीर भौशीक बसका, रोडशो, रॅली करतात. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी काल रोहिणी आनी वझीरपूर वाठारांतल्या भौशीक बसकांनी उलोवप केलें. रोहिणींतल्या एका सभेत उलयतना शाह हाणी सत्तेर आयल्यार शारांतल्या बायलांक दोन हजार पांचशें रुपया दितले अशें उतर दिलें.

कृष्णनगरांत रॅलीक संबोधीत करतना भाजपाचे अध्यक्ष जे.पी.नड्डा हांणी आरोप केलो कि फाटल्या धा वर्सांत आपान अराजकता निर्माण केली. तांणी केंद्र सरकाराच्या खंयच्याच येवजणेचो फायदो घेतलो ना आनी दिल्लीच्या जनतेची दिशाभूल केली. कॉंग्रेसीचो वरिश्ठ फुडारी राहुल गांधी हाणी यमुना न्हंयांतलें प्रदुशण, कथित सोऱ्याचो घोटाळो, आनी हेर प्रस्नांचेर केजरीवाला हांचेर टिका

केली. बडली वाठारांत रॅलीक संबोधीत करतना गांधी हांणी आपाच्या निमंत्रकान तांच्या काळांत भ्रश्टाचार केल्ल्याचोय आरोप केलो.

भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  दिल्ली वेंचणुके आदीं आयज दनपारां  द्वारका हांगा रॅलींत उलोवप करतले. तशेंच केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी आनी उत्तराखंडाचे सीएम पुष्कर सिंग धामी सयत हेर पक्षाचे फुडारी वेगवेगळ्या मतदारसंघांनी भौशीक बसका घेतले.

Gujarat – 70

केंद्रीय गृहमंत्री आनी सहकार मंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्षतेखाला काल नवी दिल्लींत गुजरातांत तीन नवे गुन्यांवकारी कायद्याची अंमलबजावणी करपा विशीं नियाळ बसका जाली. गुजरातांतल्या पुलीस, जेल, न्यायालयां, अभियोजन आनी न्यायालयीन वेवस्थे संबंदीत वेगवेगळ्या नव्या तरतुदींची अंमलबजावणी आनी सद्याची स्थिती हे विशी ह्या बसकेंत नियाळ घेतलो.

बसकेंत गुजरात सरकारान 30 एप्रिल 2025 मेरेन सगळ्या आयुक्तालयांनी, आनी पुराय राज्यांत बेगीनांत बेगीन नवे गुन्यांवकारी कायदे चालीक लावपाची खात्री करची अशें शाह हाणी सांगलें.

Steel – 45

केंद्रीय पोलाद मंत्री एच.डी. कुमारस्वामी हाणी काल विशाखापत्तनम स्टील प्लांटक भेट दिली. केंद्रीय मंत्रीमंडळान स्टील प्लांटच्या पुनरुज्जीवन करपा खातीर 11,440 कोटी रुपयांची मान्यताय दिल्ल्या फाटभुंयेर ही भेट आयल्या. केंद्रीय मंत्र्यान प्लांटाची पळोवणी करून कर्मचाऱ्यांक केंद्र सरकारा कडल्यान शक्य तितलो आदार मेळटलो अशे आश्वासन दिले.

ICG - 120

तटरक्षक क्षेत्र (पश्चिम) चे कमांडर महानिरीक्षक भीष्म शर्मा हांणी म्हायती दिली की भारतीय तट रक्षक- आयसीजीन 2024 वर्सा 37,217 कोटी रुपयांचे  अंमली पदार्थ जप्त केल्या जी हालींच्या काळातली  सगळ्यांत चड जप्ती आसा. १ फेब्रुवारीक मनोवपा आशिल्ल्या  तटरक्षक दलाच्या स्थापना दिसा आदीं मिडिया

कडेन उलयतना श्री शर्मा हांणी सांगलें, अंडमान दर्यांत सुमार 6 हजार किलो मादक पदार्थांची व्हड जप्ती हि ह्या  यशात मोठे योगदान आसा.

HIL – 110
हॉकी इंडिया लीगांत आयज उपांत्य फेरयेंत श्राची राधे बंगाल टायगर्स आनी तमिळनाडू ड्रॅगन्स संघा आड खेळटले. रौरकेला हांगाच्या बिरसा मुंडा आंतरराष्ट्रीय हॉकी स्टेडियमांत सांजवेळा 6:00 वरांचेर मॅच सुरू जातली जाल्यार जेएसडब्ल्यू सुरमा हॉकी क्लब आनी हैदराबाद टूफन्स हांचे मदीं ह्याच मैदानाचेर सांजवेळा 8:15 वरांचेर  मॅच जातली.
श्राची राध बंगाल टायगर्स 19 गूण मेळोवन गट पांवड्यार पयलें सुवातेर आसा आनी लीगांत वट्ट णव गॉल करपी जुगराज सिंग हो तांचो सगळ्यांत बरो खेळगडो. जेएसडब्ल्यू सुरमा हॉकी क्लबय 19 गूण घेवन टायगर्सांच्या बरोबर आसा. दुसरे वटेन हैदराबाद टूफन्स 18 गूण घेवन तिसरो क्रमांक मेळयलो.
ISL – 40
इंडियन सुपर लीग (आयएसएल) फुटबॉलांत काल रातीं चेन्नयच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत केरळ ब्लास्टर्स एफसीन चेन्नयीन एफसीचेर 3-1 अशे जैत मेळयलें. आयज मुंबय फुटबॉल एरिना मैदानाचेर मुंबय सिटी एफसी आनी ईस्ट बंगाल एफसी हांचे मदीं खेळ जातलो. सांजवेळा 7.30 सावन ही मॅच जातली.